**जैविक विविधताय नोंद सुदारणा मोहिमेचो शुभारंभ**

ता. 23 मे 2023

पर्यावरण, रानां आनी हवामान मंत्रालयाच्या राष्ट्रीय जैविक विविधताय प्राधिकरणान आयज आंतरराष्ट्रीय जैविक विविधताय दिसानिमतान गोंय सरकाराच्या राज्य जैविक विविधताय मंडळाच्या जोड पालवान आयोजीत कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केंद्रीय पर्यावरण राज्यमंत्री श्री. अश्वीन कुमार चौबे हांच्या उपस्थितीत भौशीक जैविक विविधताय रजिस्टर सुदारणा तथा पुनर्तपासणीच्या राष्ट्रीय मोहिमेचो शुभारंभ केलो. आंतरराष्ट्रीय जैविक विविधताय दिसानिमतान आयोजीत जैविक विविधताय प्रदर्शनाचेय मुख्यमंत्र्यान उक्तावण केले.

कार्यक्रमात उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी जैविक विविधतायेचो सांबाळ करपा खातीर प्रत्येक मनशान जबाबदारी घेवपाची गरज उक्तायली. जैविक विविधतायेचो सांबाळ करपाच्या वावरा खातीर सरकारा कडल्यान तांत्रिक आनी अर्थिक पाटबळ दिवपाचीय घोशणा मुख्यमंत्र्यान ह्या वेळार केली. आमच्या पुर्वजांनी आमची संस्कृती, परंपरा आनी जैविक संपदेचो सांबाळ केलो. नव भारत निर्माण करपा खातीर आमी जैविक संपदेचो सांबाळ करपाक जाय, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

केंद्रीय पर्यावरण राज्यमंत्री श्री. अश्वीन कुमार चौबे हांणी जैविक विविधतायेचो सांबाळ करपाच्या मोहिमेत लोकांनी सहभागी जावपाची गरज उक्तायली.

पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्याचें मंत्री श्री. निलेश काब्राल हांणी जैविक विविधतायेचो सांबाळ करपा खातीर सगळ्यांनी मेळून एकवटान काम करपाची गरज उक्तायली. जैविक विविधताय मोहिमेक सुरवात करपी गोंय हे पयले राज्य आशिल्ल्याचें सांगून काब्राल हांणी जैविक विविधताय पुरस्कार जैतवंताचे अभिनंदन केले.

राष्ट्रीय जैविक विविधताय प्राधिकरणाचे अध्यक्ष श्री. सी. अचलेंद्र रेड्डी हांणी मोहिमेची म्हायती आनी म्हत्व सांगलें.

सांतआद्रेंचे आमदार श्री. विरेश बोरकर हांचेय ह्या वेळार उलवप जालें.

ह्या वेळार मंत्र्याहस्तुकीं पद्मश्री बिजमाता राहिबाई पोपरे हांचो सत्कार जालो. तशेंच जैवविविधताय पुरस्कार भेटयले.

सुरवातीक पर्यावरण आनी हवामान बदल सचीव अरूण कुमार मिश्रा हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री. सुभाष जाण हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

राष्ट्रीय जैविक विविधताय प्राधिकरणाचे सचीव डॉ. बी. बालाजी हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/427

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.